Panaji National 5th February 2025 8.40am

- दिल्लीं विधानसभा वेंचणुके खातीर मतदान सुरू आसा.
- लोकसभेन राष्ट्रपतीच्या अभिभाषणावेलो आभार प्रस्ताव आवाजी मतदानान मान्य केलो.
- केंद्रीय ग्रामीण उदरगत मंत्री शिवराज सिंग चौहान आयज वॉटरशेड यात्रा hybrid मोडांत सुरू करतले.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज प्रयागराजांत महाकुंभ मेळ्याक भेट दितले.
- आयज इंडियन सुपर लीग फुटबॉल सर्तीत मोहन बागान सुपर जायंट आनी पंजाब एफसी पंगडामदी खेळ जातलो.

Delhi polls – 185

दिल्लीं विधानसभा वेंचणुके खातीर मतदान सुरू आसा. आयज सकाळीं 7 वरांचेर मतदान सुरू जालें आनी सांजवेळा 6 मेरेन मतदान चालू आसतलें. सगल्या 70 मतदारसंघांनी मतदान सुरू आसा. सगळ्या मतदारसंघांनी सुरक्षेची खर वेवस्था केल्या. ६९९ उमेदवारांखातीर एक कोटी ५६ लाखां मायज पात्र मतदार मतदान करतले अशी अपेक्षा आसा. आम आदमी पक्षाचे राष्ट्रीय संयोजक अरविंद केजरीवाल, दिल्लीच्यो मुख्यमंत्री आतिशी आणि दिल्लीचे मंत्री गोपाल राय, भाजपचे विजेंदर गुप्ता, प्रवेश वर्मा, रमेश बिधुरी आणि कैलाश गहलोत हे प्रमुख उमेदवार आसात. काँग्रेसीन संदीप दीक्षित, हारून युसुफ आनी आल्का लांबा हांकां उमेदवारी दिल्या.

राष्ट्रीय राजधानीत मुक्त, निष्पक्ष आणि शांततेत मतदान सुनिश्चित करपाखातीर फावो ती वेवस्था केल्या. 70 विधानसभा मतदारसंघांनी 13 हजार सातशें वयर मतदान केंद्रां स्थापन केल्यात. मतदान सुरळीत जावचे म्हूण सगल्या मतदान

केंद्रांचेर गरजेच्यो सुविधा उपलब्ध आसात हाची खात्री केल्या. तातूंत रॅम्प, व्हीलचेर, वैजकी पंगड आनी क्रेश सुविधांचो आस्पाव जाता. एक कोटी छप्पन लाख पात्र मतदारांतले 83 लाखां वयर दादले, सुमार 72 लाख बायलो आनी 1 हजार दोनशें 67 ट्रांसजेंडर आसात. यापैकी सातशे त्र्याऐंशी मतदार शंबर वर्सां वयर आसात.

मतदान कर्मचाऱ्यांक आनी हेरांक वेळार पावपाक मेळचें म्हणू दिल्ली मेट्रो सेवा सकाळीं 4 सावन सुरू जाल्या.शेनवारा मतमेजणी जातली.

PM – 170

आपल्या सरकारान गरीबांच्या कल्याणा खातीर जायतीं पावलां उबारल्यांत, ताचो परिणाम म्हूण 25 कोटी लोक गरिबींतल्यान भायर सरल्यात अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल सांगलें. फकत सरकाराच्या वचनबद्धतेन, निश्ठेन आनी कश्टाक लागून हें शक्य जालां अशें तांणी सांगलें. येवजण्यो शंबर टक्के चालीक लावपाचेर भर दिवन विकसीत भारताचें ध्येय साध्य करपा खातीर आपलें सरकार वावुरता अशें तांणी सांगलें. काल लोकसभेंत संसदेच्या संयुक्त बसकेंत राष्ट्रपतीच्या अभिभाषणावेल्या उपकार प्रस्तावाचेर जाल्ले चर्चेक प्रधानमंत्री जाप दिताले. राष्ट्रपतींचे अभिभाषण प्रेरणादायी आशिल्ले आनी विकसित भारताच्या दिकेन सरकारच्या प्रयत्नांक बळकटी मेळिल्ल्याचे मोदी हाणी सांगळे.

तांणी सांगलें, सरकारान शासनांत पारदर्शकता हाडल्या ताचो परिणाम म्हूण कोट्यानी रुपयांची बचत जाल्या. मध्यमवर्गाक कर प्रोत्साहन दिवपा खातीर घेतिल्ल्या वेगवेगळ्या पावलांचो प्रधानमंत्र्यानि उल्लेख केलो. प्रधानमंत्र्यानि म्हणलें, ताच्या सरकारान देशांतल्या तरणाट्यां खातीर नोकरीच्यो संदी वाडयल्यात.

भारतांत आर्टिफिशियल इंटेलिजन्साची उदरगत करपा सारकिल्या उपक्रमांक तांच्या सरकारान प्राधान्य दिलां अशें मोदी हांणी सांगलें. उपरांत सभाघरान राष्ट्रपतीच्या अभिभाषणावेलो आभार प्रस्ताव आवाजी मतदानान मान्य केलो.

Chauhan – 120

केंद्रीय ग्रामीण उदरगत मंत्री शिवराज सिंग चौहान आयज 'जल लाये धन-धान्य' ह्या विशयाचेर वॉटरशेड यात्रा hybrid मोडांत सुरू करतले. काल नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक संबोधीत करतना चौहान हांणी सांगलें, वाटरशेड उदरगतीच्या कार्यावळीं विशीं जागृताय निर्माण करप हो लोकसंपर्क मोहिमेचो हेतू आसा. या मोहिमेत सहभागी आशिल्ल्या ८०५ प्रकल्पांनि २६ राज्या आणि दोन केंद्रशासित प्रदेशांतल्या ६६७३ ग्रामपंचायतींनि व्यापून सुमारे ६०-९० दिवसांखातीर व्हॅनि फिरतल्यो. ही मोहीम प्रधानमंत्री कृशी सिंचाई येवजणेचो एक भाग आसा जी शेती, उदरनिर्वाह आनी पर्यावरण सुदारपा खातीर नैसर्गिक संसाधनांच्या शाश्वत वेवस्थापनाचेर भर दिता. काल नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना चौहान हांणी सांगलें, हे मोहिमेक लागून उदका संवर्धन आनी मातयेच्या इबाडा विशीं लोकां मदीं जागृताय निर्माण जातली. चडांत चड लोकांक हे मोहिमेत वांटो घेवपाचो उलो तांणी मारला.

SHAH-J&K MEETING - 90

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हांच्या अध्यक्षतेखाला काल दिल्लींत जम्मू-काश्मीराच्या सुरक्षा विशी नियाळ बसका जाली. हे बसकेंत गृह सचिव गोविंद मोहन, लष्करप्रमुख जनरल उपेंद्र द्विवेदी आनी हेर वरिश्ठ अधिकारी हाजीर आशिल्ले. फाटल्या म्हयन्यांत जाल्ले निमाणे नियाळ बसकेंत केंद्रीय गृहमंत्र्यान सगल्या सुरक्षा एजन्सींक आतंकवादाचेर शून्य सहिश्णुताय धोरण आपणावपाक आनी जम्मू-काश्मीरांतलो आतंकवाद ना करपा खातीर समन्वयात्मक पद्दतीन वावुरपाचो निर्देश दिल्लो. तांणी एरिया डोमिनेशन प्लॅन आनी झीरो टेरर प्लॅन मिशन मोडांत चालीक लावपाचेर भर दिल्लो. दहशतवादी घडणुको, घुसखोरी आणि दहशतवादी संघटनांनि तरुणांची भरती हातूंत लक्षणीय घट जाल्ले खातीर सुरक्षा संस्थांच्या प्रयत्नांचे शाह हाणी कौतुक केले.

Mobile Vaishnaw – 80

भारतान फाटल्या धा वर्सांत मोबायल आनी इलॅक्ट्रॉनिक्स उत्पादनाच्या मळार बरीच प्रगती केल्या. इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सोशल मिडियाचेर पोस्ट करून सांगलें, 2014 वर्सा देशांत फकत दोन मोबायल उत्पादन युनिट आशिल्ले, जाल्यार आयज देशांत 300 वयर युनिट आसात.फाटल्या दशकांत भारतांत मोबायल फोन उत्पादन क्षेत्रांत 12 लाख प्रत्यक्ष आनी अप्रत्यक्ष नोकऱ्यो निर्माण जाल्यात अशें वैष्णव हांणी सांगलें. मेक इन इंडिया उपक्रम आत्मनिर्भरताय आनी उत्पादनाक चालना दिता आनी रोजगाराची संद निर्माण करता अशें वैष्णव हांणी सांगलें.

PM Mahakumbh – 70

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज प्रयागराजांत महाकुंभ मेळयाक भेट दितले. ते संगमात पवित्र स्नान करतले आणि मा गंगाची पूजा करतले.

भारताच्या आध्यात्मिक आनी सांस्कृतीक दायजाचो संवर्धन आनी सांबाळ करपाच्या सरकाराच्या वचनबद्धते प्रमाण प्रधानमंत्र्यान तीर्थस्थळांचेर मुळावी बांदावळ आनी सुविधा वाडोवपा खातीर सतत सक्रिय पावलां उबारल्यांत. हाचे आदीं फाटल्या वर्सा 13 डिसेंबराक प्रयागराजच्या भेटी वेळार तांणी 5500 कोटी रुपयांच्या 167 उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण केल्ले, जाका लागून सामान्य लोकां खातीर संपर्क सुविधा आनी सेवा सुदारली.

Tripura – 115

त्रिपुराचे मुख्यमंत्री डॉ. माणिक साहा हाणी म्हळां की सहकारी संस्थांच्या विस्ताराक लागून फक्त बेरोजगारीची समस्या सुटची ना तर दहशतवादाच्या कारवायांचेर अंकुश लागतलो. अगरतलात जाल्ल्या “सहकारी संस्थांचो प्रसार आनी विकास” ह्या विशयाचेर राज्य पांवड्यावेले दीसभर चलपी परिशदेक संबोधीत करतना मुख्यमंत्र्यान सांगलें की सध्या णव लाख लोक त्रिपुरांतल्या सहकारी संस्थां कडेन प्रत्यक्ष वा अप्रत्यक्षपणान संबंदीत आसात. राज्यांतल्या लोकांची समाजीक-आर्थीक स्थिती वाडोवपा खातीर 20 ते 30 लाख लोकांक सहकारी संस्थां कडेन जोडूंक मेळटा अशें तांणी सांगलें. सहकारी वावरांत मोट्या प्रमाणांत लोक वांटो घेतल्यार राज्याचे जायते समाजीक-आर्थीक प्रस्न सुटावे जातले आनी राज्याची अर्थवेवस्था फुलतली अशें तांणी सांगलें.

प्राथमीक कृशी सहकारी पतसंस्था संगणकीकरण करून आनी पंचायत पांवड्यार बहुउद्देशीय पीएसीएस स्थापन करून तांकां घटमूट करपा खातीर उपक्रम केल्यात अशी म्हायती मुख्यमंत्र्यान दिली.

J&k roads – 90

केंद्र शासित प्रदेश जम्मू-काश्मीरांतल्या गांवगिऱ्या रस्त्यांची प्रधानमंत्री ग्राम सदक येवजणेखाला फाटल्या तीन वर्सांत बरीच उदरगत जाल्या. थंय 5 हजार किलोमीटर परस चड रस्ते बांदल्यात. लोकसभेंतल्या प्रस्नाक जाप दितना ग्रामीण उदरगत राज्यमंत्री कमलेश पासवान हांणी सांगलें की, 2021-22 वर्सा वट्ट 3,278 किमी रस्ते बांदले, जाका लागून गांवगिऱ्या वाठारांनी जोडणी वाडली. 2023 वर्सा वट्ट 1,217 किलोमीटर रस्त्याच्या कामाक मान्यताय मेळ्ळी आनी 464 किलोमीटर बांदकाम काम पुराय जालें. 2023-24 वर्सा 535 किमी रस्तो बांदपाक मान्यताय दिली आनी तातूंत 956 किमी काम पुराय जालें. ह्या वाठारांत मुळावी बांदावळ सुदारपाचे दिकेन चालू आशिल्ल्या यत्नांचे हें एक निर्देशक.

RBI – 40

भारतीय रिझर्व्ह बँकेच्या चलनविषयक धोरण समितीची (MPC)ची बसका आयज मुंबयंत सुरू जाता. ही बसका शुक्रारा मेरेन चालू उरतली. भारतीय रिझर्व्ह बँकेचे गव्हर्नर संजय मल्होत्रा हे समितीचे व्याजदराचे निर्णय शुक्रारा सकाळीं जाहीर करतले. नवनियुक्त रिझर्व्ह बँकेच्या गव्हर्नरच्या अध्यक्षतेखाला ही पयली बसका आसतली.

क्रिकेट – 60

भारतीय क्रिकेट नियामक मंडळान फाल्यासावन सुरू जावपी भारत आनी इंग्लंड पंगडामदल्या तीन खेळांच्या एका दिसाच्या खेळामाळेखातीर वरुण चक्रवर्तीचो भारतीय पंगडात आस्पाव केला. वरुण हाणे इंग्लंड पंगडा आड जाल्ल्या 5 टी 20 खेळामाळेत १४ गडे बाद केल्ले. ताच्या बेसबऱ्या गोलंदाजी खातीर ताका ह्या खेळामाळेत सर्वोत्तम खेळगडो म्हूण घोषित केल्ले. नागपूरातल्या विदर्भ क्रिकेट

असोसिएशन स्टेडियमात फाल्या इंग्लंड पंगडा आड पयलो एका दिसाचो खेळ जातलो. हो खेळ फाल्या १:३०क सुरू जातलो.

आय एस एल – 20

आयज इंडियन सुपर लीग फुटबॉल सर्तीत मोहन बागान सुपर जायंट आनी पंजाब एफसी पंगडामदी खेळ जातलो. हो खेळ सांजे७.३०क कोलकातातल्या विवेकानंद युवा भारती खेळा मैदानार जातलो .